Panaji national news

10 July 2026 6.30pm

60 पुरातन वस्तू

ऑस्ट्रेलियातल्यान तामिळनाडूच्यो अमूल्य पुरातन वस्तू यशस्वीपणान भारतान परत हाड्ल्याखातीर उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी खोस उकताय्ल्या.. ह्यो पुरातन वस्तू परत हाडप हो भारताचा समृद्ध सांस्कृतिक दायज परत मेळोवपाच्या आनी ताचे जतन करपाच्या दिकेंन आनी एक महत्त्वाचो टप्पो आसा अश्ये उपराष्ट्रपती. श्री. राधाकृष्णन हाणी सोशल मीडियाच्या एका पोस्टत म्हटला. तानी हो सांस्कृतिक खजिनो देशात परत हाड्पाच्या सरकारच्या यत्नांची तोखाणाय केल्या.

उपराष्ट्रपती बिहारा ३०

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन फाल्यां गया बिहाराक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार थंयच्या बिहार भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्थेंत बिहार विधानसभेच्या वांगड्यां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळीच्या उक्तावण अधिवेशनांत उलोवप करतले.

प्रधानमंत्री ४०

तीन राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या निमाण्या पांवड्यार आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ऑकलँडाक पावले, थंय तांकां न्यूझीलंडाचे प्रधानमंत्री क्रिस्टोफर लक्सन हाणी उमेदीन येवकार दिलो. ऑकलँड विमानतळार प्रधानमंत्री लक्सन हाणी श्री मोदी हांकां रेड कार्पेटाचेर येवकार दिलो. ह्या वेळार भारतीय आनी न्यूझीलंड सशस्त्र दळांचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले.

110 जगत प्रकाश नड्डा

आयुषमान भारत डिजिटल मिशनाच्या प्रगतीचो नियाळ घेवपा खातीर केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी आयज मिशन सुचालन गटाचे तिसरे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळळे. बसके वेळार आयुष्मान भारत डिजिटल मिशन संवसारांतली एक व्हडली डिजिटल भलायकी पर्यावरण प्रणाली म्हणून उबी जाल्या, सुमार 94 कोटी आयुष्मान भारत भलायकी खातें क्रमांक तयार केल्यात आनी 105 कोटी भलायकी विक्रम जोडल्यात अशें नोंद जालें. तशेंच राष्ट्रीय डिजिटल भलायकी नोंदणींत 5 लाखा वयर भलायकी सुविधा आनी सुमार धा लाख भलायकी वेवसायिकांची नोंदणी जाल्या अशें तानी सांगला.

बसकेक संबोधीत करतना श्री नड्डा हांणी सांगलें की आयुषमान भारत डिजिटल मिशनाखाला एक घटमूट डिजिटल भलायकी सेवा मुळावी बांदावळ तयार केल्या आनी फुडल्या टप्प्यांत देशभरांत ताचो चडांत चड वापर करपाचेर लक्ष केंद्रीत करचें पडटलें.

४० जयशंकर

विदेश वेवार मंत्री डॉ जयशंकर हांणी आयज ओमानांतल्या भारतीय डायस्पोरा वांगड्या कडेन संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर डॉ जयशंकर हांणी भारत - ओमान संबंद घटमूट करपाची तांची उमेद स्पश्ट दिसता अशें सांगलां. भारतीय प्रवासी लोकांनी समाजाक तशेंच भारत-ओमान भागीदारींत केल्ल्या योगदानाची ताणें तोखणाय केली

७५ वखदा निर्मितीच्या नियमन

केंद्र सरकारन उच्च अल्कोहोलयुक्त वखदा निर्मितीच्या नियमन अधिक घटमूट कर्पाखातीर वखदा नियम, १९४५ त सुधारणा केल्या. भलायकी आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालयान इथाइल अल्कोहोल आशील्ल्या वखदा निर्मितीखातीर परवानो दिवपाच्या गरजां वयल्यान सद्याची सुट काढल्या. ज्या सगळया वखदा निर्मितीत व्हॉल्यूम प्रति व्हॉल्यूम १२ टक्क्यांपरस चढ इथाइल अल्कोहोल आसत आणि ज्यांचे प्रमाण ३० मिलि लिटर परस चढ आसत, तांका यापुढे अनुसूची 'के' अंतर्गत दिल्ली सूट लागू जावची ना . अशा उत्पादनांक वखाद आणि सौंदर्यप्रसाधन 1940 खाला गरजेचे परवाने मेळोवचे पडटले.

## निती आयोगान

निती आयोगान टाटा मोटर्स फावंडेशन हांचे वांगडा अभिसरण आदारीत पद्दती वरवीं आकांक्षी ब्लॉकांतल्यान एकत्रीत ग्रामीण उदरगतीक चालना दिवपा खातीर हेतू विधानांत स्वाक्षरी केल्या. सोशल मिडियाचेर निती आयोगान सांगलां की, गांवांतल्या संस्थांक घटमूट करप, सरकारी येवजण्यांचो वापर सुदारप, शेतकी आनी उदरनिर्वाह वाडोवप, भलायकी आनी पोशण वाडोवप, शिक्षण आनी गांवांतली मुळावी बांदावळ सुदारप, आनी स्वताची मजत गटांतल्यान बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरनिर्वाहाक आदार दिवप हाचेर ह्या सहकार्याचेर भर दितले.

## खेळां90

भारत आनी न्यूझीलंड 2026 वर्सा खेळां संबंदांची शंबर वर्सां मनयतात.1926 वर्सा हो प्रवास सुरू जल्लो .हॉकी दोनूय देशांक लागीं हाडपाचें काम चालूच दवरता. १९२६ वर्सा भारतीय लश्करी हॉकी पंगड न्यूझीलंडांत भोंवडी करपी पयलो भारतीय खेळां पंगड जालो तेन्ना खेळां संबंद सुरू जाले. मेजर ध्यान चंद हे  त्या इतिहासीक पंगडाचो भाग आशिल्लो, ताका लागून हॉकी इतिहासांतलो हो एक याद उरपी अध्याय थारलो. शंबर वर्सां उपरांत इश्टागत वाडत आसा. अंदूच्या वर्साचे सुरवेक ऑकलॅंडांत जाल्ल्या एफ आय एच बायलांच्या हॉकी पंगडान फायनलींत येजमान न्यूझीलंडाक हारोवन  भारतान कप जिखलो.

## 50 हवामान

फुडल्या 3-4 दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, बिहार, उदेंत मध्य प्रदेश आनी मध्य महाराष्ट्राचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान एजन्सी कडल्यान उक्तायला. कर्नाटक, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या देशांनी ह्याच काळांत अशीच हवामानाची परिस्थिती तयार जाव्पाची शक्यताय आसा.